**Panaji National 13th September 2026 6.30pm**

BRICS फकत राष्ट्रांचो एक समूह नासून ती उपायांची एक इकोसिस्टम आसा आनी फाटल्या दोन दिसांनी जाल्ल्या चर्चांनी ह्या विश्वासाक आनीक बळकटी दिल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. 'लवचिकता, नाविन्य, सहकार्य आनी शाश्वतता' ह्या विशीच्या BRICS सत्राच्या आपल्या समारोपाच्या भाषणांत मोदी हांणी आशा उक्तायली की, BRICS शिखर परिषदेंत स्वीकारिल्लें नवी दिल्ली घोषणापत्र सामायिक दृष्टिकोन आनी भविश्यांतल्या सहकार्यखातीर स्पष्ट दिशा दितलें.

नवी दिल्ली शिखर परिशद यशस्वी केल्ल्या खातीर तांणी सगळ्या ब्रिक्स राश्ट्रांची, भागीदार देशांची आनी तांच्या पंगडांची तोखणाय केली. तांच्या सक्रीय सहभागाखातीर आनी मोलादीक योगदानाखातीर प्रधानमंत्र्यानि तांचे उपकार मानले.

हाचे आदीं परिशदेच्या उक्त्या अधिवेशनांत उलयतना मोदी हांणी सांगलें, महामारी, हवामान संबंदीत आपत्ती आनी पुरवण साखळेत जावपी व्यत्यय हांणी दाखोवन दिला की, आजच्या परस्पर जोडिल्ल्या जगांत खंयचेय संकश्ट एकाच प्रदेशा मेरेन मर्यादित उरना.

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शहा हाणी आज मुंबईत 'एशियाटिक सोसायटी' त 'श्री गणेश ज्ञानआरती' या हस्तलिखितांच्या खासा प्रदर्शनाचे उद्घाटन केले. ह्या वेळार उपस्थितांक संबोधित करतना शहा हाणी म्हळें, भारताकडे ज्ञानाची एक समृद्ध आणि तेजस्वी परंपरा आसा, जिच्या प्रकाशात संपूर्ण जगाक मार्गदर्शन करपाची क्षमता आसा.

केंद्रीय मंत्र्यानि ग्रंथालयाकय भेट दिली आनी एशियाटिक सोसायटीच्या हस्तलिखित जतन प्रयोगशाळेत सुरू आशिल्ल्या कामाची पळोवणी केली. महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आनी हेर मानेस्त ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

कोरडवाहू शेतीखातीर उपाययोजनांक गती दिवपा खातीर दक्षिण-दक्षिण आनी त्रिकोणी सहकार्य वाडोवपाचो उलो मारून तीन दिसांची 'कोरडवाहू प्रदेश कॉंग्रेस 2026' चो नवी दिल्लींत समारोप जालो. 'कोरडवाहू जमनी विशीं दिल्ली घोशणापत्र अर्थात (3D)' आपणावन ही कार्यावळ सोंपली अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. हे घोशणापत्रांत ग्लोबल साऊथ देशांमदीं सहकार्य, गिन्यानाचे आदान-प्रदान, नवनिर्माण

आनी एकत्रित कृती वरवीं कोरडवाहू शेतीत बदल घडोवन हाडपाचो सामायिक कृतीचो अजेंडा निश्चित केला.

एआय कंपनी अँथ्रोपिकचे सीईओ, डारिओ अमोडेई हाणी एआय उद्योगाच्या वेगवान विकासाचो वेग उणो करपाचे आवाहन केला. तंत्रज्ञानाच्या गतीकडेन जुळवून घेवपाखातीर सुरक्षा उपायांक वेळ लागतलो, असे तांचे म्हणणे आसा. सुरक्षेचे घटमूट उपाय नासतना एआय स ते बारा म्हयन्यां भितर एका गटाचें फुडारपण करपाक सक्षम जावंक शकता अशी शिटकावणी तांणी दिल्या. ओपनएआयचे सीईओ सैम ऑल्टमैन आनी xAI मुखेली एलान मस्क हांणी हाका  तेंको दिला.

क्रिकेटांत, भारत आयज दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत अफगाणिस्तान आडच्या तीन मॅचींच्या टी-20 माळेची सुरवात करतलो. पयली मॅच भारतीय वेळा प्रमाण आज सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. मंगळारा दुसरी टी-20, उपरांत बिरेस्तारा तिसरी आनी निमाणी मॅच जातली. तिनूय खेळ एकाच सुवातेर जातले आनी एकाच वेळार सुरू जातले.

महिला क्रिकेटांत आयज दुबयंत टी-20 आशिया कप सर्तींच्या फायनलीत भारत श्रीलंका आड खेळटलो. हि मॅच भारतीय वेळा प्रमाण रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली.

भारतीय हवामान खात्यान आज गुजरातात दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच आयएमडीन मध्य महाराष्ट्र, सौराष्ट्र, कच्छ, तेलंगणा, विदर्भा आनी मध्य प्रदेशात उटगाराचो orange अलर्ट जारी केला.